**नाविकांक कळोवणी**

ता. 25 मार्च 2021

दोनापावलाच्या सीएसआयआर- राष्ट्रीय समुद्र विज्ञान संस्थेन ता. 24 मार्च 2021 दिसा अरबीं समुद्र, मांडवी न्हंय, कुंभारजुवा कॅनल आनी जुवारी न्हंयच्या ल्हारांचो झोत आनी सुकतीभरतीची नोंद करपा खातीर वेगळ्या वेगळ्या जाग्यांचेर तरंगते बोयो (उदकांत उपेवपी खुणों) आनी मिटर दवरल्यात. उफेवपी बोयो उदकांत जाल्यार मिटर दर्यादेगांलागी बसयल्यात.

अरबीं समुद्रात तेरेखोल न्हंयच्या तोंडार, कळंगुट, ग्रॅण्डे आर्यलण्ड, माजोड्डे, काब द राम फोर्ट, पोळे, मांडवी न्हंयत अटल सेतूच्या पुर्वेक, आखाडा जेटीलागी, जीटीडीसी जेटी पणजी, नावेली, खांडेपार, कुंभारजुवा कानाल आनी जुवारी न्हंयत म्हार्दोळ, राशोल ओल्ड चर्च सांकवाळ आनी पंटेमळ पूल हांगा अशें बोयो आनी मिटर बसयल्यात. हे बोयो आनी मिटर 25 एप्रिल 2021 तारखेक काडटले.

ते खातीर वयल्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या काळांत ल्हारांचो झोत आनी सुकतीभरतीची नोंद करपाच्या कामाक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/353

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa